**बेकायदेशीर टॅक्सी वेवसाय करतल्याचेर कारवाय**

ता. 7 डिसेंबर 2017
16 मार्गशीष 1939

येरादारी खात्यान बेकायदेशीर टॅक्सी वेवसाय करपी तशेंच दुसऱ्या राज्यात भौशीक सेवा वाहन म्हुण नोंद केल्या पूण गोंयात टॅक्सी वेवसाय करतल्यांआड कारवाय सूरू केल्या. कायदो मोडून खाजगी वाहनांचो वापर प्रवासी आनी म्हालाचे येरादारीखातीर व्हडा प्रमाणात जाता आनी अशा बेकायदेशीर वेवसायाक आळाबंद घालपाखातीर खात्यान मोहिम सूरू केल्या.